Panaji

National News

10/12/2025 1830 hrs

भारत असो देश जावपाखातीर वचनबद्ध आसा जय मानवी हक्कांचे फक्त संरक्षणच करनात पूण मानवी हक्कय मनयतात अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. २०२५ वर्साच्या मानवी हक्क दिसाच्या कार्यावळीत आणि नवी दिल्लीत दिसपट्ट्या जिणे आवश्यक वस्तू सुनिश्चित करपा वीशीच्या राष्ट्रीय परिषदेत उलयताना राष्ट्रपतींनी कोणाकूच त्यांच्या हक्कांपासून वंचित दवरप न्हय हाचेर भर दिलो. मानवी हक्क दिस हो न्याय्य, समतापूर्ण आणि दयाळू समाजाची पार्श्वभूमी आसा हाचेर राष्ट्रपती मुर्मू हाणी भर दिलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नागरिकांक 'तुमचे पयशे, तुमचो हक्क' चळवळींत वांटो घेवपाचो उलो मारला. लिंक्ड इनाचेर एक पोस्ट शेअर करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणला कि नागरिकां खातीर विसरून गेल्ल्या अर्थीक मालमत्तेचें नव्या संदित रुपांतर करपाची ही एक संद. लोकांक तांची दावो नाशिल्ली ठेवी, विम्याची येणावळ, लाभांश आनी हेर अर्थीक मालमत्ता वसूल करपाक करप हि मोख आसा अशें तांणी फुडें सांगलें.

विशेष सघन सुदारणा (एसआयआर)चो दुसरो पवडो सुरू जालल्या पासून ५० कोटी ९६ लाखांपरस चड गणना फॉर्म वितरित केल्यात आशे वेचणूक आयोगान सांगला सुमार 51 कोटी मतदारांतले 99.98 टक्के मतदार ह्या टप्प्यांत आस्पावतले.आतां मेरेन 50 कोटी परस चड फॉर्म डिजिटायज जाल्यात अशें आयोगान सांगलें. तातूंत म्हणलां ही गणना फॉर्म सादर करपाची निमाणी तारीक 11 डिसेंबर आसा झालयार केळर राज्यांखतिर 18 डिसेंबर आसा. वेंचणूक नोंदींच्या एसआयआरचो दुसरो टप्पो 4 नोव्हेंबराक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रीयशासित प्रदेशांनी सुरू जालो.

छत्तीसगढ, गोंय, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, पुडुचेरी, लक्षद्वीप, अंडमान आनी निकोबार जुंवे ह्या टप्प्यांत असपवतात . फुडल्या वर्सा 14 फेब्रुवारीक निमाणी मतदारांची वळेरी उजवाडावन वेंचणूक नोंदींत व्हड प्रमाणांत सुदारणा जातली. हे  विशी आय्कात गोयच्या एका मतदारान उक्तायले मत

भारतीय रेल्वेंत बायलांचे सुरक्षेक सगळयांत चड प्राधान्य दितात अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हणला . आयज लोकसभेंत एका प्रस्नाक लेखी  जाप दितना वैष्णव हांणी सांगले कि  रेल्वेन जीआरपीच्या समन्वयान बायल प्रवाशांचे सुरक्षे खातीर जायतीं पावलां उबारल्यांत. मेरी सहेली उपक्रमांतल्यान पुराय प्रवासांत लांब अंतराचे रेल्वेंतल्यान एकटे प्रवास करपी बायलां प्रवाशांचे सुरक्षेचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें तांणी सांगलें. जायत्या डब्यांनी आनी रेल्वे स्टेशनांनी बसयल्ल्या सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यां वरवीं देखरेख दवरतात अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

भारतीय  हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, छत्तीसगढ, हरियाणा, चंडीगढ, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, ओडिशा, पंजाब, तेलंगना आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात काय सुवातींनी थंडीची  ल्हारां येवपाचो  अदमास उक्तायला . तशेंच फुडल्या 2 दिसांत उदेंत उत्तर प्रदेश, ओडिशा आनी ईशान्य राज्यांतल्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पडटलें असो अदमास आयएमडीन उक्तायला

हॉकींत काल रातीं सांतिआगोंत जाल्ल्या एफआयएच हॉकी ज्युनियर बायलांच्या विश्वचषक 2025त   9व्या  ते 12व्या  सुवाते खातीरच्या  पात्रताय सामन्यात  भारतान उरुग्वचो पेनल्टी शूट आवटात  3-1 असो पराभव केलो. भारत  फाल्यां नवव्या सुवाते खातिर  स्पेन आड  खेळटलो.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच खेळांच्या  ट्वेंटी-२० क्रिकेट खेळा माळेतल्या  पयल्या खेळात  काल राती भारतान दक्षिण आफ्रिकेक १०१ धावण्यानी हारयले. ओडिशातल्या  कटकात   बाराबती स्टेडियमात हो खेळ जालो.